# <u>अखील भारत नागरी सेवा बुद्दीबळ सर्ती खातीर निवड चाचणी</u>

ता. 5 मे 2025

अखिल भारत नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळां मंडळा वतीन गोंय सरकारच्या खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या जोड पालवान 21 ते 30 मे 2025 मेरेन गोंयांत अखील भारत नागरी सेवा बुद्दीबळ सर्तीचे आयोजन करपात येतले.

ह्या सर्तीच्या फांटभुंयेर गोंय राज्य नागरी सेवा दादले आनी बायलांच्या पंगडांची निवड करपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान निवड चाचणी आयोजीत केल्या. निवड चाचणी 6 आनी 7 मे 2025 दिसा बॅडमिण्टन हॉल, पेडे म्हापसा हांगा जातली. दादले आनी बायलां खेळगड्यांनी 6 मे दिसा सकाळी 9.00 वराचेर खात्याचे वळखपत्र आनी खेळां सामानासयत सर्तीच्या थळार हजर रावचे.

सरकारी खात्यांनी नियमीत कर्मचारी म्हूण काम करपी इत्सुक खेळगड्यांनी ए. पी. ई.. ओ. श्रीमती आंतोनेता पिंटो ( मो. 9822481805) हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/439

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.